## राज्यांत नुस्तेंमारी वेवसाय वाडोवपा खातीर सरकार प्रयत्नशील- मुख्यमंत्री

ता. 2 जानेवारी 2025

राज्यांत नुस्तेंमारी वेवसाय वाडोवपा खातीर राज्यांतल्या चडांत चड लोकांक ह्या वेवसायात हाडपाखातीर सरकार प्रयत्नशील आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सचिवालयांत नुस्तेमारी संचालनालयान आयोजीत अक्वा गोवा मेगा फिश फेस्टिव्हलच्या शुभारंभपुर्व कार्यक्रमात उलयतना सांगलें. नुस्तेमारी संचालनालया वतीन 10 ते 12 जानेवारी मेरेन कांपाल मैदानाचेर महोत्सवाचे आयोजन करपात येतले.

महोत्सवात वेगवेगळ्या जातींचे नुस्तें आनी सागरी जीवांवळींच्या प्रदर्शना सयत विंगड विंगड सर्ती, खाणां-जेवणांचे स्टॉल्स आनी करमणूक कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येतले.

गोंयांक स्वयंपूर्ण करपा खातीर नुस्तेंमारी खात्याचीय म्हत्वाची भुमिका आसा. नुस्तेंमारी आनी वेपार करपाच्या वेवसायांत चडांत चड लोकांक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या महोत्सवाचो उद्देश आसा. नुस्तेंमारी वेवसायांत आशिल्ल्या लोकांक ह्या तीन दिसांच्या महोत्सवात भरपूर संदी मेळटल्यो, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

नुस्तेंमारी मंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर हांणी नुस्तेंमारी वेवसायिकांक एका माचयेर हांडून तांकां सरकारी येवजण्यों आनी नुस्तेंमारी वेवसायांतल्या आधुनिक तंत्रज्ञानाची म्हायती करून दिवप तशेंच युवकांक ह्या वेवसायाकडेन आकर्शीत करप हो अक्वा गोवा मेगा फिश महोत्सवाचो उद्देश आशिल्ल्याचें सांगलें. गोंय राज्य नुस्तेंमारी संस्कृती आनी वेवसायाखातीर फामाद आसून लोकांनी महोत्सवाक भेट दिवन महोत्सव यशस्वी करपाक सहकार्य करचे, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार अक्वा गोवा मेगा फिश महोत्सवाची जागृताय करपाच्या व्हॅनीचेय उक्तावण केले.

नुस्तेंमारी खात्याच्यो संचालक यशस्विनी बी., उपसंचालक चंद्रकांत वेळीप, अवर सचीव आंतोनियो सावियो लोरेन्स आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/04

--

-------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.